# <u>कला आनी संस्कृती खात्याचे कला गौरव पुरस्कांर जाहीर</u>

ता. 1 डिसेंबर 2021

गोंय सरकाराच्या कला आनी संस्कृती संचालनालयांन कला गौरव पुरस्कार जाहीर केल्यात. कला आनी संस्कृती संचालनालयावतीन साहित्य, संगीत/नृत्य नाटक, तियात्र, चित्रकला, छायचित्रण, लोकसंगीत, लोककला, हस्तकला, शिल्पकला, भजन, किर्तन, चित्रपट अशां मळार उत्कृश्ट योगदान दिवपी 60 वर्सां पिराये वयल्या ज्येश्ठ कलाकारांचो ह्या पुरस्कारांन सन्मान करतात. ह्या वर्सा गोंय मुक्तीचे 60वे वर्स जाल्यार भारत स्वातंत्र्याचे 75वे वर्स मनोवपात येता आनी त्या निमतान ह्या वर्सा 60 कलाकारांचो कला गौरव पुरस्कार भेटोवन सन्मान करपाचो निर्णय घेतला. रोख 25,000/- रूपया, प्रशस्तीपत्र, शाल, श्रीफळ अशां स्वरूपात पुरस्कार भेटोवपात येता.

साहित्य क्षेत्रांतल्या योगदानाखातीर श्रीमती शोभा शिवा फुलकार, वामन गोविंद टकेकर आनी श्रीमती आना तेरेझा फेरेरा, संगीत क्षेत्रांतल्या योगदानाखातीर सदानंद एल. सतरकर, कामिलो पी. फर्नांडिस, अजीत एम. सरदेसाय, गुरूदास जे. तारी, जनार्धन ए. कुंडईकर, आल्वितो ए. एम. आरावजो आनी रॉक एक्स. एफ. फर्नांडिस, लोककला क्षेत्रांतल्या योगदानाखातीर श्रीमती नम्रता एन. पोटणीस, गणेश देऊ घाडी, श्रीमती सिता रामा बोरकर, पांडुरंग फटी नाईक, श्रीमती रूक्माबाय कृष्णा च्यारी, श्रीमती प्रमोदिनी पी च्यारी आनी सोनू टी. मुरगांवकर, तियात्र क्षेत्रांतल्या योगदानाखातीर जुवाव एफ. रॉड्रिग्स, मारियो पी. मिनेझीस, जुवाव पी. डायस, श्रीमती सुकोरिना फर्नांडिस, पिटर व्ही. फर्नांडिस आनी नेत्रकांत पंचवाडकर, नाट्य क्षेत्रांतल्या योगदानाखातीर श्रीमती गुलाब डी. सावंत, भिवा सी. परब, राघोबा व्ही. परब, अमृतराव आर. भोसले, रत्नाकर व्ही. राऊत देसाय, गजानन व्ही. बांदेकर, पांडुरंग एच. गांवस, श्रीमती किरण आर. कामत, वासुदेव एल. नाईक, श्रीमती शितल ए. गायतोंडे, सुरेंद्र वाय. वळवईकर, रोहिदास एस. नाईक, सत्यवान पी. नाईक, सुधाकर एस. देसाय, मुरारी आर. कलशावकर, दिगंबर एम. कोळवाळकर, श्रीमती सुगंधा एस. हळर्णकर, विनायक के. महाले, देविदास के. देसाय, फा. डॉम्निक जी. आल्वारिस आनी लक्ष्मण एम. काणकोणकर, भजन क्षेत्रांतल्या योगदानाखातीर कृष्णा एम. वेर्णेकर, पुंडलिक एम. नागवेकर, धर्मू ए. एस. करमलकर, मुकुंद आर. च्यारी, श्रीमती मंगला एस. जांभळे, श्रीमती सुमित्रा धारगळकर, फोंडू व्ही. नाईक, व्यंकटेश पी. नाईक, लॉरेन्स जे. विल्सन, मुरारी व्ही. कांदोळकर, चंद्रकांत व्ही. गावडे आनी साजू उर्फ मनोहर एन. नाईक, हस्तकला क्षेत्रांतल्या योगदानाखातीर प्रेमानंद एन. पाटील, विद्याधर एम. कुडणेकर आनी तुळशिदास एल. कवळेकर आनी पेंटिंग क्षेत्रांतल्या योगदानाखातीर दिपक आर. गाड हांची पुरस्काराखातीर निवड जाल्या.

हे पुरस्कांर खास सुवाळयात भेटयतले. सुवाळयाची तारीख उपरांत कळयतलें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1007

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji